पणजी राष्ट्रीय खबरो

14.04.2026 @8.40 am

नमस्कार आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी dk तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता. हयो आसात काय मुखेल खबरो

- भारतीय संविधानाचे शिल्पकार डॉ.बी.आर. आंबेडकर यांच्या एकशे छत्तीसा/व्या जयंतीनिमित्त आज पुराय राष्ट्र तांका आदरांजली अर्पण करता
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तराखंडांतल्या देहरादून शारांत दिल्ली-देहरादून इकॉनॉमिक कॉरिडॉर'चे उक्तावण करतले
- 23 एप्रीलाक अस्तंत बंगाल विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या टप्प्या आदीं राजकी पक्षांनी आपली प्रचाराची सुरवात पुराय नेटान सुरू केल्या.
- आयपीएल क्रिकेटांत आयज चेन्नय सुपर किंग्स आनी कोलकाता नाइट रायडर्स हांचे मदली मॅच चेन्नयच्या एम.ए.चिदंबरम स्टेडियमार जातली.

आता पुराय खबरो

आंबेडकर 110

भारतीय संविधानाचे शिल्पकार डॉ.बी.आर. आंबेडकर यांच्या एकशे छत्तीसा/व्या जयंतीनिमित्त आज पुराय राष्ट्र तांका आदरांजली अर्पण करता. ह्या निमतान देशभरांत वेगवेगळ्यो कार्यावळी आयोजीत केल्यात. नवी दिल्लींत आयज सकाळीं संसद भवनाच्या आवारांत डॉ बी आर आंबेडकर हांकां श्रद्धांजली ओपपाची कार्यावळ घडोवन हाडल्या.
राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी डॉ.बी.आर. आंबेडकर यांच्या जयंतीनिमित्त नागरिकांक शुभेच्छा दिल्यात. राष्ट्रपतीनी आपल्या संदेशांत डॉ. आंबेडकराक आदरांजली ओपली आणि ते एक कायदेतज्ज्ञ, अर्थशास्त्रज्ञ, विचारवंत, कायदेपंडित आणि समता समाज/व्यवस्थेचे खंबीर पुरस्कर्ते आशील्ले अशे म्हणला. समाजांतल्या वंचित आनी दुबळ्या घटकांच्या उदरगती खातीर आपलें पुराय जिवीत ताणी ओंपलें आनी तांच्या कल्याणा खातीर इतिहासीक योगदान दिलें अशें ताणी मुखार म्हणला.
ह्या वेळार बाबासाहेब आंबेडकराचे आदर्श आपल्या जिवितांत आपणावपाचें आनी न्यायपूर्ण, समावेशक आनी प्रगत राष्ट्र उबारपाच्या वावरांत योगदान दिवपाचें आवाहन राष्ट्रपतीनी सगळ्यांक केला.

**मुर्मू 50**

दोन दिसांच्या गुजरात भेटीचेर आशिल्ली राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू गांधीनगरांतल्या 'लोकभवनांत' आयज डॉ. बी.आर. आंबेडकर यांच्या जयंतीनिमित्त आयोजित सामाजिक समरसता महोत्सवा'त सहभागी जातली. ह्या वेळार गुजराताचे राज्यपाल आचार्य देवव्रत आनी मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल हाजीर आसतले. उपरांत गांधीनगरांत जावपी 'राष्ट्रीय रक्षा विद्यापीठ' च्या पांचव्या दीक्षांत सुवाल्याक राष्ट्रपती hajir रावपाची आसात. ह्या सुवाळ्या वेळार सुमार पांचशे tryannv विद्यार्थ्यांक पदवी प्रदान करतले .

**मोदी 120**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तराखंडांतल्या देहरादून शारांत दिल्ली-देहरादून इकॉनॉमिक कॉरिडॉर'चे उक्तावण करतले. तशेंच दिल्ली-देहरादून अर्थीक मार्गाच्या उंचायेच्या सुवातेर आशिल्ल्या 'वन्यजीव मार्गाचोय प्रधानमंत्री नियाळ घेतले. उपरांत मोदी देहरादून लागसारच्या 'जय माँ दात काली देवळात ' दर्शन आनी पुजे खातीर भेट दितले.

ह्या कॉरिडोराक लागून दिल्ली आनी देहरादून हांचे मदलो प्रवास वेळ सध्याच्या स वरां परस सुमार अडेज वरां मेरेन उणो जातलो. अखंडित आनी वेगान जोडणी सुनिश्चीत करपा खातीर ह्या प्रकल्पाच्या अंमलबजावणींत 12 सुवातींनी 10 जोडणी, तीन रेल्वे उड्डाणपूल,चार मुखेल पूल आनी मार्ग कुशीकच्यो सुविधा बांदपाचो आसपाव आसा. प्रवाशांक सुरक्षीत आनी कार्यक्षम प्रवास अणभव दिवपा खातीर ह्या मार्गांत 'प्रगत येरादारी वेवस्थापन प्रणाली' सज्ज केल्या. ह्या वाठारांतली पर्यावरणीय संवेदनशीलताय, गिरेस्त जैवविविधताय आनी रानवटी जनावरां मतींत दवरून मनीस-रानवटी जनावर संघर्श खूब उणो करपाच्या हेतान ह्या मार्गाची रचना केल्या.

बंगाल 70

23 एप्रीलाक अस्तंत बंगाल विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या टप्प्या आदीं राजकीय पक्षांनी आपली प्रचाराची सुरवात पुराय नेटान सुरू केल्या. राजकी वातावरणांत रॅली, रोडशो आनी फुडाऱ्यां मदीं तिखट आरोप-प्रत्यारोपांचे सत्र दिसून येता. मतदारांक आपले वटेन वळोवपाचे सगळे यत्न चड खर जाल्यात.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हांची आयज उत्तर बंगालात खूब व्यस्त भोंवडी आसा . सकाळीं 11:30 वरांचेर ते उत्तर दिनाजपू/र जिल्ह्यांतल्या कालिया/गंजांत रोडशोचें फुडारपण करतले . हाचे उपरांत दक्षिण दिनाज/पूरांतल्या 'गोचियार गंगा/रामपूर मैदान' हांगा भौशीक बसका घेतले.

कृशी 60

गिमाळयाच्या पिकां खाला आशिल्लो लागवड वाठार चवसष्ट लाख हेक्टरा परस चड वाडला अशें कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगलां. फाटल्या वर्साच्या ह्याच कालावधीच्या तुलनेत ह्या वाठारांत उमा/शेच्या पिकां खाला शून्य पूज्य सात सात लाख हेक्टरची लक्षणीय वाढ दिसून आयल्या अशें मंत्रालयान सांगलें. 30 लाख हेक्टरां परस चड वाठारांत तांदूळ पेरलां, जाल्यार 11 लाख हेक्टरां परस चड वाठारांत कडधान्यांची लागवड केल्या अशें मंत्रालयान सांगलां.

**आता मुखवेलयो खबरो**

**कुरैशी 90**

सरकारान प्रधान मंत्री electric drive revolution in innovative vehicle enhancement म्हळयार पीएम ई-ड्रायव्ह येवजणे खाला इलेक्ट्रीक तीन चाकी वाहनां खातीर अनुदान आनीक दोन वर्सां खातीर वाडयला अशे नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन बसकेंत उलयतना उद्देग मंत्रालयाचे अतिरिक्त सचीव डॉ.हनीफ कुरैशी हांणी सांगलें.

**Byte**

देशभरांत एलपीजीची पुरवण बरी आसा. अस्तंत आशियांतल्या संकश्टाक लागून पुरवण साखळींत कसलीच आदमेळी येवची न्हय हे खातीर आनी गैरवापर टाळपा खातीर ओटीपी आदारीत घरगुती एलपीजी वितरणाची पद्दत निश्चीत केला अशे आंतर मंत्रालयीन बसकेंत उलयतना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें.

**Byte**

इराण 60

भारतातले इराणचे राजदूत डॉ. मोहम्मद फथाली हाणी, कठीण काळात विश्वासार्ह आणि संवेदनशील भागीदार थारील्याबद्दल भारत सरकार आणि भारतीय जनतेचे आभार मानल्यात. नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना तांणी

ह्या कठीण काळांत गरजेची सगळी वेवस्था उपलब्ध करून दिल्याबद्दल सरकाराचेय उपकार मानले. भारत आनी इराण हांचे मदीं हितसंबंद समान आसात आनी फुडाराकय दोनूय देशां मदले सौहार्दपूर्ण संबंद अशेच कायम उरतले अशे डॉ. मोहम्मद फथाली हाणी म्हणला.

मांडविया 100

युवा वेव्हार आणि खेळा मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हांणी 'माय भारत बजेट क्वेस्ट २०२६' त आभासी पद्धतीन वाटो घेतलो आणि देशभरातल्या सहभागी कडे संवाद साधलो. काल या क्वेस्टाच्या समारोप समारंभात उलयताना, त्यांनी युवकांक विकसित भारताच्या संकल्पनेत सक्रियपणान योगदान दिवपाक प्रोत्साहित केले आणि लोकशाय घटमुट करपाक त्यांची महत्त्वपूर्ण भूमिका आशिल्याचे नमूद केले. 'माय भारत बजेट क्वेस्ट २०२६' ची संकल्पना तरुण नागरिकांक शासन प्रक्रिया आणि केंद्रीय अर्थसंकल्पाकडे जोडपाक एक राष्ट्रीय माची म्हणून केल्या. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीनी आपल्या पत्रात युवकांच्या व्यापक सहभागाचे कौतुक केले आणि अधोरेखित केले की, अशे संवाद तरुण मनांमधली सर्जनशील क्षमतेक चालना दितात, शासनाक बळकट करतात आणि भारताच्या फुडारातल्या विकासाची दिशा थारायतात.

स्पोर्ट्स 100

आयपीएल क्रिकेटांत हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमांत जाल्या खेळात कर्णधार इशान किशन हाणें केल्या ekyanav धांवड्यांच्या धडक खेळान आनी नवोदित प्रफुल्ल हिंगे आनी साकिब हुसेन हांणी दरेकीं चार विकेटी घेतिल्ल्यान सनरायझर्स हैदराबादान राजस्थान रॉयल्साक सत्तावन धांवड्यांनी हारयले. प्रफुल्ल हिंगेक सामनावीर'म्हूण जाहीर केलो.

आयज चेन्नय सुपर किंग्स आनी कोलकाता नाइट रायडर्स हांचे मदली मॅच चेन्नयच्या एम.ए.चिदंबरम स्टेडियमार जातली. सांजवेळा 7:30 वरांचेर खेळ सुरू जातलो.

**हवामान 70**

भारतीय हवामान विभागान आज अरुणाचल प्रदेश, उप-हिमालयीन astant बंगाल आणि सिक्कीमातल्या कांय सुवातानी घोग्याच्या पावसाचो अंदाज दिला. ईशान्य भारत, कर्नाटक, उप-हिमालयीन असतांत बंगाल, सिक्कीम, केरळ आणि माहेच्या काय वाठारांनी दिस भरात गडगड आणि विजांचो कडकडाट जावपाची शक्यता आसा. हवामान विभागान आज सौराष्ट्र आणि कच्छात उष्णतेचे ल्हार येवपाचोय अंदाज दिला. फुडल्या ३-४ दिसांत आंध्र प्रदेश, बिहार, दर्यादेग कर्नाटक, गुजरात, केरळ, माहे, कोकण आणि गोय, ओडिशा, तामिळनाडू, पुदुचेरी आणि कराईकलच्या काय भागांनी उष्ण आणि दमट हवामान उरपाची दाट शक्यता आसा.

आनी आता खबरो सोपोव्चे पयली परत एक फावट मुखेल खबरो

- भारतीय संविधानाचे शिल्पकार डॉ.बी.आर. आंबेडकर यांच्या एकशे छत्तीसा/व्या जयंतीनिमित्त आज पुराय राष्ट्र तांका आदरांजली अर्पण करता
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तराखंडांतल्या देहरादून शारांत दिल्ली-देहरादून इकॉनॉमिक कॉरिडॉर'चे उक्तावण करतले

- 23 एप्रीलाक अस्तंत बंगाल विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या टप्प्या आदीं राजकी पक्षांनी आपली प्रचाराची सुरवात पुराय नेटान सुरू केल्या.
- आयपीएल क्रिकेटांत आयज चेन्नय सुपर किंग्स आनी कोलकाता नाइट रायडर्स हांचे मदली मॅच चेन्नयच्या एम.ए.चिदंबरम स्टेडियमार जातली.

आणि इतल्यान हयो राष्ट्रीय  खबरो सोपलयो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे mukhavele राष्ट्रीय  खबरापत्र तुमका आयकूक मेलटळे सांजेच्या सात वरा वीस  मिंटयांचेर नमस्कार

- भारतीय संविधानाचे शिल्पकार डॉ.बी.आर. आंबेडकर यांच्या एकशे छत्तीसा/व्या जयंतीनिमित्त आज पुराय राष्ट्र तांका  आदरांजली अर्पण करता
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तराखंडांतल्या देहरादून शारांत दिल्ली-देहरादून इकॉनॉमिक कॉरिडॉर'चे उक्तावण करतले
- 23 एप्रीलाक अस्तंत बंगाल विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या टप्प्या आदीं राजकी पक्षांनी आपली प्रचाराची सुरवात पुराय नेटान सुरू केल्या.
- आयपीएल क्रिकेटांत आयज चेन्नय सुपर किंग्स आनी कोलकाता नाइट रायडर्स हांचे मदली मॅच चेन्नयच्या एम.ए.चिदंबरम स्टेडियमार जातली.

**इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो.**

**आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले - सांजेच्या  ६.३०  मिंनटाचेर.नमस्कार**